चैतर

प्रकाश द. नायक

9.12.88

चैतर

प्रकाश दत्ताराम नायक

© प्रकाश दत्ताराम नायक

□

पयलें छापप : १९८७

□

अुजवाडावपी :

अुमाकांत शेटचे
अक्षय प्रकाशन
वळवय, सावय-वेरें
फोंडें-गोंय.
४०३ ४०१

□

छापपी :

हिरू नारायण नायक
अपुरबाय प्रिंटर्स
वळवय, फोंडे-गोंय

□

मुखपृष्ठ

श्रीधर कामत बांबोळकार

□

मोल

वीस रुपया

म्हजो गांवभाव भौ. पुंडलीक नायक हांगेल्या
बंडखोरीतले शांततायेक .....

चैत्रवनांत एक सांजपासय

भर फाल्गुनांत 'चैतर'चें हातबरप हातात आयलें. सांजेच्या आदेसाभितर सगल्यो कविता पयले फ्लवट वाचून काडल्यो. ह्या चैत्रवनांत भोवंडी मारतना मन 'चैत्रचांफो' कशें फुल्लें. तातूंतलींच काय 'चांफी' हांगां दवरतां.

कांय कवींक निसर्ग – कवी म्हणून वळखुपाची चाल पडल्या. देखीक मराठींतलो बालकवी आनी इंग्लिशींतलो वड्स्वर्थ. पुण अमुक एक कवी हो निसर्गाचो, तमुक कोणतरी कवी मनशांचो अशी वर्गवारी करप सारकें आसा व्हय ? एक मात हांव जाणा, खंयचोय बरो कवी सैमाक बरोबर घेवन, तांतूतल्यान संदर्भ घेवन, भोवतणच्या अचेतन, अदृश्य वस्तूंक मूर्त आनी सजीव अशें मनशाळें रुप दीत बरोवंक लागता तेन्ना ती कविता खूब बरी जावं येता.

'चैतर'चो कवी पावला कणकणी सैमाक मनशाळायत फुडें वता. ह्या कवीक Personification भेसबरें जमता. त्याभायर तो हें मेजक्याच उतरांनी करता. आयतीं उतरां घेनासतना वेळ पडल्यार स्वतःची अशीं नवीं नवीं उतरां घडयता.

दुवाळच्यांच्या बायलांक एकएकदां माती लेगीत खायन दिसूं येता. पुण हांगां तर मातयेकूच दुवाळे लागल्यात; कसले ?

"शेताचे, बैलांचे, नांगराचे
....
शेतकाराच्या वासाचे
कामेऱ्यांच्या कण्ण्यांचे!"
('माती')

हांगां पावस येतना कसो येता ? तो येता कुपांच्या कोपांतलो सोरो पियेवन तर्र जावन आनी मागीर ते सोंशीक बावडे धर्तरेक धरून धाडायता, बडयता :

"निकतोच 'तो' येवन गेलो
'तिका बडय बडय
बडोवन गेलो
'ती' ... धर्तरी !
'तो' ... पावस ! ! "
('ती आनी तो')

एकादी सांज हांगां 'गर्भार' म्हणटां म्हणटां वांझ थारून दुखेस्त जाता :

"ती एक गर्भार सांज
रानांतली...
....
रान रोंपांर
विरयत शिरावयलो भार

एक सवण्या भिरें
उडत येवन बसलें... !

....
सवण्या भिरें
सांजेक मुरगट्टालें

....
आनी ... हाय ... !
अचकीत तें सवण्या भिरें
ते रानसांजेक,
सलाम करीत
भुर्र उडलें ... ! "

('सुकीसांज')

आंगां – पांगांचें, न्हेसपा – करपाचें कसलेंच धंगण नाशिल्ले एकाद्रे स्त्रैर बायलमनशेवरी एक रान पळयात कशें पातळ्ळां :

"एक रान
उगडेंच
उदारें निहदिल्लें !

....
पिटपिटच्या दोळ्यांनी
मळब तोखेतालें

....
पांचवें वस्त्र न्हेशिल्लें

....
त्या वस्त्रांत
तळपथानांक लिपयतालें

....
ताका — वाऱ्याक
म्हऱ्यांत आपयतालें

....
आतां करड–गादयेर
बिण्ण काळखांत
सुस्त घोरेतालें"

('एक रान')

ह्या चैत्रवनांत सैम मनीस जाता तेचपरी मनीस सैमाळें रूप घेता. 'मदना' चें वारें आंगांवयल्यान वता तेन्ना —

" ... आंगरुपी झाडांक
ल्हवेकणकणी
कोमरी फुटल्या
मोगाची . . . ! "

('कोमरी')

"तुज्या मोगान
रंगलीं

फुडारचित्रां
मनमळबांत !"
('तुज्या मोगान')

काव्याक खोलाय येवपाक प्रतिमा, रुपकां, बी जायच. 'चैतर' च्या कवीकडेन हीं Potentiality आसा हें जाणवता. ह्यो वळी वाचात :

" म्हजे पावलवाटेर
रथ कसो उबो चांफो !"
('चैत्रचांफो')

ह्या कवीकडेन कल्पनाविलास आसा. सूक्षीम निरीक्षण आसा, शब्द सामर्थ्य आनी नकसुद उतरांची कलाकुसर आसा. उतरांच्या संगीताचें भान, तें आयकुपाचें कान आनी सुरांचें, तालाचें, लयीचें गिन्यान ताजें ठांय आसा तें दिसता.

मनांतले भाव सारके बरे उकतावपाक कवीक शब्दकोशांतली उतरां कमी पडटात, तेन्ना ताका नवीं उतरां घडोवंचीं पडटात, प्रचलीत उतरांय आर्ती–पर्ती घुवडावंचीं पडटात. प्रकाश दत्ताराम नायक ह्या कवीकडे विलक्षण म्हणपा-सारकें 'उतरकसब' आसा. कांय देखी :

'चंद्रन्हेसण', 'पानभूक', 'फुडारचित्रां', 'गंधगर्भी', 'सैमरंगी', 'कापुसकुपां', 'घोंटेरमनां', 'अुदकसरी', 'चैत्रचांफो', 'चैत्रपिसो' 'गंधार–गाज', 'धर्तर–भांग', 'नक्षत्र–साज', 'काजळराती', 'काजुल वाती', 'चंद्रत्रिती', 'तळपथाना', 'करडगादी'

हातूंतूय तोखणायेची गजाल, हो कवी एकेकदां एकाच उतरान (काय फांतरान?) originality, brevity, speed, fluency, imagery, sonoriety, vividity बी कितलींशींच 'शेवणी' सकयल हाडटा.

'चैतरां'तल्या संगीताचो वयर उल्लेख केला. प्रकाश हो वळवयच्या, नामनेच्या गायक आनी हार्मोनियम वादक भौ. दत्ताराम वळवयकारालो चलो. ह्या कवी कोगुळाच्या उतरताळचांतलें आनी शब्दताळचांतलें संगीत आनी harmony ताका घराण्याच्याच रुखां ताळयेर मेळ्ळचांत जावंये. ह्या कवीचीं कांय उतरां घुंगरां कशीं अक्षरश: वाजतात म्हळचार जाता. आयकात :

"प्रणयरंगांत दोगांय
जाल्यांत, दंग–दंग,
रानमळार चलला
एक प्रणयरंग !
. . . .
तो रंगराज
जाला प्रणय आशेंनूच
तंग तंग
. . . ."
('प्रणयरंग')

"चंद्र आयला अंबरांत
अंबर लिपलां पानझुंबरांत
पानझुंबर गळयत रात
धर्तरी झेमता शांत शांत   ('कविता')

हे बाबतींत ह्या कवीक बाकीबाब, हरदत्त खांडेपारकार, रमेश वेळुस्कार बी कांय 'वाजपी' कवींचे पंक्तीक बसोवं येता काय दिसता.

ह्या कवीविशीं आनी संग्रहाविशीं सगलें आतांच सांगून सोंपयना. सोपोवं नजो. हातूंत 'ऋतुकवितां' चो ('ऋतुसंहार'?) एक विभाग आसा. ह्या पुस्तकांचें घडये तें खाशेलें आकर्शण जायत. तातूंतली 'वसंत' ही कविता वाचताना म्हाका सर्गेस्त रा. ना. नायक हाणी कवी मनोहरराय हांकां लेखून २५ वर्सांफाटी बरयल्ल्या उतरांची याद जाली. ताणी म्हणिल्लें :

"हो कोंकणी कोगूळ आतां निजाचीं सुंदर आनी गोड गीतां गांवक लागला. तो वसंताचे येवप सुचयता. कोंकणी काव्यसाहित्याचो वसंतकाळ आतां पयस ना, तो बेगीन येवपाक घाला अशेंच हीं गीतां वाचून दिसूंक लागता. आपल्याच लोकांले आळसाये–उपेक्षेच्या आनी आत्महिणतायेच्या शियाळ्यान कोंकणीच्या काकडुन लाकूड जाल्ल्या आंगांत त्या कोगळांचो पांववो सूर पांववेचार जिवसाणीची उब घालीत अशी आस्त हीं सुंदर गीतां वाचून मनाक लागून उरता. आनी अिंग्लेज कवीयत्री कॅथरीन हिक्स हिगें अिंग्लेज सवण्याविशीं काडिल्ले ते उद्गार आमच्या ह्या तरण्या कोंकणी कविकोगळाविशींय खरें जांव अशी, म्हजे अंतस्करण प्रार्थना करता. "And when he calls cuckoo, the summer is here!"

(–'गोंया तुज्या मोगाखातीर' १९६१ प्रस्तावनेंतल्यान)

हय ! ही भविश्यवाणी पुराय खरी जाल्या. कोंकणी कविकोगळांचें केदें व्हडलें भिरें पळोवपाचें भाग्य आम्कां मेळ्ळां. नवे पिळेय येत आसात. कोंकणी साहित्याचो वसंतकाळ आयला. 'चैतर' चो कवी म्हणटा :

"आयलो वसंत, आयलो वसंत
आयलो वसंत ऋतुराज आयज !

झाडाझाडार,
शिपडायत पाववो कोर
रंग भरल्या मळबांत
कुपांकुपांची लायत पेंज !

कुहू कुहू गायत कोगूळ
आनी जाला पंचम स्वरमंडळ
पंचमासयत उठ्ठा आयज
वाऱ्याविरयत गंधार गाज !"

'चैतर' वनांतल्या कोगळाचो ताळो सगल्या ऋतूंत सगल्या रसिकांच्या कानार पडचो अशें आवडेता. ह्या कोगळाचो स्वर उठून दिसता. भिऱ्यांतल्या हेरांपरस हो ताळो बरोच वेगळो पुण मंजूळ हातूंत दुबाव ना.

राय, गोंय   **प्रकाश थळी**
२१/३/८९.

मांडावळ

माती

तूं येतलें

ती आनी तो

पानझुंवर

शेतकार

कोमरी

रात

पडबिंब

कविता

त्या रानां

कविता

आयलो श्रावण

दोन सुकणी

कित्याक .....?

तुज्या मोगान

त्यो श्रावणधारो

वाजय मरे बांसरी

कितुलीं पिपुशीं

म्हजी मासाळ माती

घर

चंद्रन्हेसण

काळीज

सुकी सांज

पिसाळे

एक रान

कविता

कविता

प्रणयरंग

कविता

हांगा हें सगळेंच अशें

म्हजे गोंय

काजळराती

खुरीस

कविता

कविता

चैत्रचाफों

ऋतु कविता

वसंत

ग्रीश्म

वर्षा

शरद

हेमंत

शिशिर

पूर्व प्रसिध्दी

शब्दूल, कोंकण टायम्स, जैत, कोंकणीचे कुळार, कोंकणी, ऋतु, पोटतिडक, फुलती फुलां (प्रतिनिधीक काव्य संग्रह), वांगडी, आकाशवाणी पणजी.

माती

ही माती
हिका लागल्यात दुवाळे,
शेताचे, बैलांचे, नांगराचे !

हे मातयेच्या नाकाक
लागल्या दुवाळे
शेतकाराच्या वासाचे,
कामेऱ्यांच्या कण्यांचे !

ही माती,
खावंक सोदता,
शेतकाराच्या आंगांतली शक्त,
बैलांच्या आंगांतली शक्त
हिका तान लागल्या
मनशाच्या घामां–कश्टांची !

ही माती,
मनशाक शिकयता,
कश्टांनी जगपाक !

तूं येतलें

केन्नायतरी तूं येतलें,
चान्न्या रातचें,
कुळागरांतल्यान,
पारदसां शेणैत ...

केन्नायतरी तूं येतलें,
नितळ सावळेचें,
अमरायच्यान,
मन चंवरीत ....

केन्नायतरी तूं येतलें,
झिळमीळ उजवाडाचें
पलतडच्यान,
मोगाक आशेत ....

केन्नायतरी तूं येतलें,
दिसाच्या वोताचें
भर बाजारांतल्यान
भांगरा – सपनां फांकारीत ...

केन्नायतरी तूं येतलें,
केन्नायतरी तूं येतलें .....

ती आनी तो

निकतोच 'तो' येवन गेलो
'तिका' बडय बडय
बडोवन गेलो,
'ती' ... धर्तरी !
'तो' .... पावस ! !

पानझुंबर

तो पानझुंबर
तो पानझुंबर !

झुंबरांत
एकूच गोणो – चंवर !

तो पानझुंबर
चंवर – गोण्यांतल्यान
म्होंवा – धार !

तो पानझुंबर
झुंबरांत
एकूच घोटेर !

तो पानझुंबर
रंगला
पिपुशा सादार !

तो पानझुंबर
वारो लागून
कसोच उरना थाऱ्यार !

तो पानझुंबर
झुंबर मदेला
तरण्या पानांर !

पुण, तो पानझुंबर
एक दीस पडलो
गळून धर्तरेर !

तो पानझुंबर
सोबयतालो
सबंद वाठार !

तो पानझुंबर
उरतालो, जण एकल्याच्या
मन – मेटांर !

तो पानझुंबर
कुसून गेलो
हे धर्तरेर !

तो पानझुंबर
मागीर उल्लोना
कोणाचेच नदरेर !

तो पानझुंबर,
तो पानझुंबर .... !

शेतकार

आशेचो दोंगर रचून
शेतकार देंवलो शेतांत
खोपीकडल्यांन भायर सरून
बैलांची दावीं काडून

रगताचें अुदक करून
शेतकार देंवलो शेतांत
माथ्यार पेजेची धार घेवन
रखरखत्या वोतात

वेंतभर पोटाची चरी भरूंक
शेतकार देंवलो शेतांत
जमनीचें भांगर करूंक
सैमाची सोबा वाडोंवक

कपलावयलो घाम पिळून
शेतकार देंवलो शेतात
बैलांचे मानेर जूं दंवरून
कणसांची मोतयां करूंक

कोमरी

त्या दिसाच्यान. ..
म्हज्या आंगरूपी झाडांक,
ल्हंवें – कणकणी
कोमरी फुटल्या,
मोगाची.... !

रात

धूंद दीस न्हिदला
रातीचे कुशीन
न्हिदेंत सपन ....
सपनांत,
मळबाक हुमकळपी
नक्षत्रां आनी चंद्रीम .... !

मळब निळे,
दोंगर धिगी,
रात काळो,
वावशी ओकी !

क्रिणकीण आवाज
पयसुल्ले तेमयेर
दोळे दिपयत
चान्ने दर्यार !

पडबिंब

जेन्ना
वोठांक – वोंठ तेकले
तुजे – म्हजे
तेन्ना,
तुज्या
दोळयांच्या मुंडुळयांनी,
देखलें हांवें
म्हजेंच,
अस्पश्ट
पडबिंब .... !

कविता

म्हारूखापोंदा
एक
सानरुख
वथरेता . . . . !

म्हारुखार
एक कीड
पानभूक
भागयता . . . . !

त्या रानां

पाचव्याचार रानां,
पाचवीं मनां,
त्या रानां,
काण्णां – चुन्नां.

त्या रानां,
रानफुलां,
पानापानांर,
पाख्यां – पावलां.

त्या रानां,
तळपांच तळपां,
तळपाकुशीन
व्हडलीं झोपां.

त्या रानां
चडणां – मोडणां
तीं माडुयतना
खोस मनां.

कविता

पारदसाच्या
आंगणांत तुज्या
कीर – मोर नाचता गो
कीर – मोर नाचता
आनी
कीर – मोर देखतना
तुज्या दोळयांनी
खोसये – दुखां हांसता गो
खोसये – दुखां हांसता.

आयलो श्रावण

आयलो श्रावण
आयलो श्रावण !

तटासलें
शिरे – शिरेन
पाचवें पान
पाचवें पान
            आयलो श्रावण !

शिडी शिडी पावस
सोंसता बाये कुडकुडो
हे रान,
हे रान
            आयलो श्रावण !

पानावयल्यान गळटा
थेंब – थेंब धर्तरेर
आता हे धर्तरेक,
फकत हें ओथाम्यांचें दान
ओथाम्यांचे दान,
आयलो श्रावण !

भाताझाडान लिपला
पोटूर – पोटूर हें
पाचवें मन,
पाचवें मन
आयलो श्रावण !

आयलो तसोच
गेलो श्रावण,
भातां झाडार हें
भांगरावशेष
गेलो सांडून !

आयलो – गेलो श्रावण !

दोन सुकणी

दोन सुकणीं
मेरेर उबी
एकमेकां कानांत
कितें फुतफुतता ?

दोन सुकणीं
पाखां फुलयत
चोंचीर – चोंच मारून
कसलो मोग करता ?

दोन सुकणीं
तेंकून येत
पोल्याक पोलो लावन
कोणांक दाखयता ?

दोन सुकणी
चिवचिव करीत
दोळे किलकिलावन
कोणाक तिश्टता ?

दोन सुकणीं
भुर्रर उडत
अटंग्या मळबाक
कित्याक तोखेता ?

दोन सुकणीं
तुकूतुकू पळयत
पाचव्याचार शेतांत
कितें सोदता ?

दोन सुकणीं...
दोन सुकणीं....

कित्याक .... ?

गुलाबावरी,
पोल्यांर तुज्या
म्हजे वोंठ तेकल्या कित्याक ?
कापसावरी,
आंग तुजें
म्हजे वेंगेंत दडलां कित्याक .... ?

तुज्या मोगान

तुज्या मोगान
म्हज्या दारांत
आयलीं नक्षत्रां
फुलां जावन.

तुज्या मोगान
रंगली
फुडारचित्रां
मनमळबांत !

त्यो श्रावणधारो

त्यो श्रावणधारो
त्या शांत वेळार
येवन गेल्यो.

त्यो श्रावणधारो
धर्तरी, ओली – चिप्प
भिजोवन गेल्यों

त्या श्रावणधारांनी
झाडांझाडांर फुटलो
पाचवो झरो

तेन्ना
सैम काळजांतल्यान,
पिसो जालो.

त्यो श्रावणधारो
धर्तरेच्या पोटांत
खोल रिगल्यों.

तेन्ना
मातयेच्यो जिबल्यो
गोरवांच्या जिबल्यांक
ल्हेंवटेवन गेल्यो.

वाजय मरे बांसरी

श्रीहरी श्रीहरी
वाजय मरे बांसरी

तुजे बांसरेक रे कान लागल्या
म्होंव्या आवाजाची लोकांक तान लागल्या
हांव ही राधा, तुजीच रे खरी
वाजय मरे बांसरी
श्रीहरी श्रीहरी

फुलानफूल हालता पळय
माडान माड धोलता पळय
साद तांचो आयक तरी
आनी वाजय मरे बांसरी
श्रीहरी श्रीहरी

फेंसाचो हांसो फांकयत
ल्हारान ल्हार फुतफुतता
म्हणत एकसारकी
श्रीहरी श्रीहरी
वाजय मरे बांसरी

श्रीहरी श्रीहरी

सैमान तुजेर मोगाचो पावस ओतलो
तुजेसयत तुजे बांसरेक न्हाणयलो
आतां तरी दी मरे हयकारी
आनी वाजय मरे बांसरी

श्रीहरी श्रीहरी.

कितुलीं पिपुशीं

कितुलीं पिपुशीं
सांजपारार
दर्या ल्हारांर
धांव घेता !

कितुलीं पिपूशीं
झाडां रुखार
पानां फुलांर
चोंचीं भोंवडायता !

कितुलीं पिपूशीं
शेतां – मेरांर
गोरवां फाटीर
पाखां किसयता !

कितुलीं पिपूशीं
मळबा तेंगशेर
आमूरपिके आमोरेर
कुर्गां तोखेता !

कितुली पिपूशीं
आलतड – पलतड
कित्याक गाजयता ?

कितुलीं पिपूशीं,
कितुलीं पिपूशीं ...

म्हजी मासाळ माती

म्हजी मासाळ माती
नांगरान पेचली
तरीपुण,
ती दिवन गेली,
मोलादीक भातांकणसां
तिच्या पुताच्या हातीं

म्हजी मासाळ माती
पावसान कुडकुडली
तरीपुण,
पूताच्या बैलांक जाय म्हुण,
तिणे तण किल्लयलें
आपल्या छातीं

म्हजी मासाळ माती
कुदळेच्या घायांनी सोलपली
तरीपुण,
आपल्या पुतासावन
तिण केन्नाच तोडलीना
आपली आवय – पूताचीं नातीं

म्हजी मासाळ माती,
म्हाका – शेतकाराक,
रात – दीस ख्यास्त दिता
तरीपुण,
ती दिता
मोलादीक भातां – कणसां
म्हज्या हातीं

म्हजी मासाळ माती
म्हाका – शेतकाराक
कळनासतना,
एक दीस उमेदीन
आपल्या गोपान घेती

म्हजी मासाळ माती...
म्हजी मासाळ माती....

घर

ह्या पैस अशा एकोडयाच जाग्यार
किडयां – पाख्यां बगर कोण्ण ना.
हो जागो,
असोच उक्त्यार,
हांगा आसा
एक मोडकें घर !
पावस – वोतान हें घर मोडलां,
दोनूच वण्टी ताच्यो उब्यो हांगां,
वयल्यान गेल्यां,
कड्डा – वालींची पावलां,
तशींच,
माती – गुण्यांनी गुतल्या,
तायखिळ्यांची फुलां.

हे वण्टीर
दोनूच अक्षरां...
मदीं फुटून गेल्यांत, . . .
फुडल्यान दोनूच हीं दारां,
सवण्यांची जाग हांका फातोडच्या पारा.
हे वण्टीर खंयच्यानतरी,
कावळयांनी....
उडयल्या हांगा,
नुस्त्याचे कांटे
हे घर सामकें पोरणे
रावतालें जांवये हांगा एक घराणे.
हांगा हें हुनहुनीत वारें,
कड्डा – वालींक नाचोवन वता,
कुशीक पळयत बसल्यां
कान्याची व्हडली रुखां.

चंद्रन्हेसण

धर्तरेच्या गोपांत
चंद्र न्हेसण न्हेसलां,
पुनवेचें... !
वयर
चंद्र लय धरता
धर्तरेवयल्या,
किडयां – पाख्यांच्या
स्वरसुरांची...
कांय वेळान
धर्तरी वेंग सोडटा
तेन्ना....
चंद्र सैरभैर धांवता
आपली लय सोडीत,
न्हेसण,
पुनवेचें सांबाळीत ... !

काळीज

काळीज म्हजें
त्या मळबाएदें
काळीज तुजें
त्या चंद्रिमाएदें !

तो चंद्रीम लिपता
त्या मळबांत
तुजे काळीज लिपता
ह्या म्हज्या काळजांत !!

सुकी सांज -

ती एक गर्भार सांज
रानांतली....
ती एक गर्भार सांज
सैम रुपांतली .... !

ते सांजेन
निळशीं कुपां पागुल्लीं,
ते सांजेन
रातराणयेची रुपां फुलयली ...!

ती सांज तळपावैली
ती सांज शितळ वाऱ्यावैली
ती सांज घन – झोपांची
ती सांज रान – रोपांची ... !

रान रोपांर
विरयत शिरावैलो भार,
एक सवण्याभिरें
उडत येवन बसलें ... !

सवण्याभिरें,
सांजेक मुरगड्टालें,
सवण्याभिरें
फुडें येतल्या खिणांची वाट पळयताले ... !

आनी . . . हाय ... !
अचकीत तें सवण्याभिरें
ते रानसांजेक,
सलाम करीत
भुर्र्र उडले ....

ती एक सुकी सांज,
साप्प सुकी सांज ... !

रान रोपां
घन झोपां
निळशी कुपां
तांचीय सामकी सुकी रुपां
ते सांजेभशेन,
ते सुके सांजेभशेन ... !

न्हय ती अेक गर्भार सांज
ती एक सुकी सांज
भिऱ्याचें पर्तवण केल्ली
ती एक सुकी सांज ...
ती एक सुकी सांज .... !

पिसोळे

पेट्टे वातीकडेन
झोपय मारशी पिसोळया . . . ?
ते झोपयेन,
तुका उजो पेट्टलो,
रंगतली तुजी पाखां
घशीन काळे काळे
तूं हुलपतलें, लासतलें,
तेन्ना तुका कोण सोडयत ?
तुज्या झोपय मारपी
आंगाच्या वाऱ्यान
तुका ती पेट्टी वातूच
अदीक झोपय मारतली
तुकां मारून उडोवपापासत
वयली सर्गाची दारा उक्ती करून.
हें जग लेगीत
एक बंदखण,
ते बंदखणीपासूनच
तूं जालें, तूं घडलें पिसोळया !
जेन्ना, तुकां पाखां फुटलीं

तेन्ना तूं उडून गेलें
बंदखणीच्या दारांक बंदनासतना
बंदखणीतल्यां बेडयांक बदनासतना
बंदखणीतंल्यान भायर सल्लां
म्हणुनूच तूं आयज
पेट्टे वाती म्हऱ्यांत पावलां.
ते वातीकडेन खेळपाचो
तुजो बेठोच यत्न.
तुजेय खरें ....
तुकां तरी कशें कळटलें आसलें
ते वातींत कितें आसा तें,
ते वातींत कितलो अुजो आसा ते
आनी ....
ते वातींत कितलें
थंड – शितळ तेल आसा तें ?
पुण,
हे पळय ––
आपूण पालवनासतना
ती वात तुकां
एक दीस

गिळून उडयतली !
तिका लेगीत खबर ना
आपूण केन्ना पालवत ती . . . . !
फकत
कापसा – तेलाच्या बळार
आयज तुकां ती मारतलीच,
तुकां ती लासतलीच
आनी .... अशेच . . .
एक दीस
तिका कळटलें
आपलें लेगीत जिवीत
तुजेभशेन,
पिसोळयाभशेन.
हे कळटना
कोळशेतली
चित्तली...
आपल्या कर्मांच्यो यादी एकठांय करीत
आपणें कितल्या पिसोळयांक सोपयलीं
कितल्या जाणांक हुलपयलीं !

अेक रान

एक रान
उगडेंच
उदारें न्हिदिल्लें !

एक रान
पिटपिट्या दोळ्यांनी
मळब तोखेतालें !

एक रान
जळजळीत
पाचवें वस्त्र न्हेशिल्लें !

एक रान
त्या वस्त्रांत
तळपथानांक लिपयतालें !

एक रान
ताका – वाऱ्याक
म्हऱ्यांत आपयतालें !

एक रान
तीनसांजचो 'तो'
येवन गेल्याउपरांत
निस्तेज...
नस्तेज जातालें !

एक रान
मागीर, हळडुव्या पानांची
गोदडी पांगुरतालें !

एक रान
आता करड – गादयेर
बिण्ण – काळखांत
सुस्त . . . .
सुस्त घोरेतालें !

कविता

दोन कावथ्यांची
दोन तरणी पानां
अेकमेकांक फुडो करून
खिदळटालीं !

एक पान ' ताचें ',
एक पान ' तिचें ',

' तो ' ' तिचो ' उमो
घेवपाक आशेला !

' तो ' आपल्यो चुडटचो
वाऱ्यावांगडा फडफडायत
तिका म्हण्टा
' म्हाका एक उमो जाय !'
' ती ' शिवडेची
मान हालयत

‘ ताका ’ म्हण्टा,
‘ आरे, आरे, तरन्या पानां
हांव उमो दिवचेंना ! ’

‘ तिचें ’ पान लागोळें
‘ ताचें ’ पान शिरंत्रांनी भारेल्लें

तिचो न्हयकार आयकून
‘ तो ’ बळयांच,
आपली शिवडी
तिचे शिवडेर मारता !
तिच्या चुड्टयांनी
आपल्यो चुड्टयो धुकलता !
. . . .
ताची शिवडी
आतां पाचवीचार जाल्या
तिची शिवडी
आतां सकयल बागवल्या !

कविता

फातर मारप
हो म्हजो छंद,
तीर धरून मारिना,
तो मेरेन
जिवीत हे धूंद !

प्रणयरंग

रानमळार चल्ला
एक प्रणयरंग !

पिक्या कड्डांत,
सुके घुशींत
रंगला एक प्रणयरंग !

प्रणयरंग दोगांय
जाल्यांत, दंग – दंग
रानमळात चल्ला
एक प्रणयरंग !

प्रणयरंगात,
दोगूय जिवांनी
दिले अेकमेकांक
उक्ते उक्ते भोग !

तो रंगराज
जाला प्रणय आशेनूच
तंग तंग
रानमळार चल्ला
एक प्रणयरंग !

एक रंगराज !
एक रंगराणी !!

एका धनगरपोरान
पळयलो हो
दोन जिवांचो प्रणयरंग !
आनी ---
कांय खिणांभितरूच
त्या धनगरपोरान
घडयलो तांचो प्रणयभंग !

कांय वेळापैलीं,
एक रंगराज
आंगभर रसरसतालो !

कांय वेळापैलीं
एक रंगराणी
रानभर पोसवतालीं !

धनगर पोरान
दोन जिवांक सोपयलें,
धनगर पोरान
जिवातलें रंगूय सोपयले !

तो रंगराज,
एक सर्पराज,
ती रंगराणी,
एक सर्पराणी !

कांय खिणांपैली
ह्या रानमळार
चलतालो अेक
प्रणयरंग !

कांय खिणांपैली
ह्या रानमळार
चलतालो अेक
नितळ मोग !

आतां रानमळावयले
भोग सोपल्यात,
आतां रानमळांवयले
रंग सोपल्यात !

देखुनूच ह्या
सुक्या सुक्या कड्डार
उठ्ठात आयज
दुखभरीत तरंग !

कांय खिणांपैलीं
रानमळार चलतालो
एक प्रणयरंग,
एक प्रणयरंग !

कविता

चंद्र आयला अंबरांत
अंबर लिपला पानझुंबरांत
पानझुंबर गळयत रात
धर्तरी झेंमता शांत शांत !

पानझुंबरापोंदा रात काळी,
काजलवाती जळींमळीं,
हांव हांगा सोदीत उबो
रुखां – खांदयांतली पानजाळी !

मळब – तेमयेर नक्षत्रांवातो,
हांगा ही गंध – धुंद रानमाती,
पळोवन उमेद धर्तरेवैली
ल्हवूच एकेक नक्षत्र घालून घेती !

झाडांआंगार वारें हात ओडी,
पानांकणकणी शिरशिरो घडीघडी,
एकेक झाड करीत चाडी,
पिकें पान पडटाच आंग काडी !

आता परत एकदां,
चंद्र आयला अंबरात,
अंबर लिपलां पानझुंबरात,
पानझुंबर गळयत रात
धर्तरी न्हिदलया शांत शांत....

हांगा हें सगळेंच अशें

ही पडींग जमीन
आनी हें पडींग तळें
तळयांत केन्नाय फुलतात
साळकां -- कळें !

तळयाक तळ काडूंक ना
तळयाक आपले थळ खबर ना
तळयाक मिर्गार व्हाळ फुडटात
मागीर तळें, तळें उरना !

तळयादेगेर एक रावला म्हारुख
शिरशिरपी उदकार
रुख सोदता
आपलें पडबिंबरुपी मुख !

दर वर्सा हो म्हारुख
आपलो गर्भ तळयांत सोडटा !
जाल्ले फळ गळून पडटा !!

तळयांतलीं, बेबकां – नुस्तें
म्हारुखाची फळां खाल्ल्याबगर रावना,
म्हारुख केन्नाच जयपतीक पावना !
आनी ....
हो म्हारुख, हे जमनीभशेन
ह्या तळयाभशेन
सामकोच पडींग जाता !

मीर्ग सोपता,
पावस सोपता,
गीम लागता,
तळें उदकावीणे तडफडटा,
मागीर तळें, तळे अुरना
तळें एक फोंडकूल जाता,
तळें एक नेमकूल जाता !

तळयांत बेबका – नुस्तें फडफडटा,
आनी
पैसुलीं बोकीं येवन
ताकां अचळय उखलता !

परतून मीर्ग लागता,
तळयाक मिर्गार व्हाळ फुडटात,
मागीर तळें, तळें अुरना !

ही पडींग जमीन,
आनी हे पडींग तळें,
तळयांत केन्नाय फुलतात
साळकां कळें !

म्हजे गोंय

कुकुलेशे गोंय म्हजें
पाचवो शालू न्हेसलां,
तांबडी – तिकली लावन ताणे
माळ्ळयां तरेकवार फुलां

कुकुलेशे गोंय म्हजें
मीना – खणींनी भल्लां,
फुलां – फळांच्या परमळात
गोंयचें नंदनवन फुल्लां.

कुकुलेशे गोंय म्हजें
दिसता आतांच उजवाडलां,
वान्सा, तिडक, दुस्वास सोडून
शेतकार आतांच शेतांत देंवला.

कुकुलेशे गोंय म्हजें,
दोंगरानी धापलां,
सलाम करूंक तुमकां
वालीनी ओणोव घेतलां.

काजळराती

काजळ राती
नक्षत्रां वाती
तेन्ना घडली
मोगा नातीं !

काजळ राती
गंधीत माती
तेन्ना पेटल्यो
काजुलवाती !!

काजळ राती
धर्तरे संगती
जुळ्ळी युगायुगांची
चंद्र प्रिती !!!

खुरीस

हें एक
रान
अटंगे
एकोडेंच रान !

रान
भोगता
एका
पुर्विल्ल्या
खुरसाचें रीण !

खुरीस
मर्दी फुटून गेला,
सोशीत
पावस – वोताचें घण !

खुरीस खूब जाणटो जालो....
ह्या जाणटेपणात
खुरसाक दीत सांगात
नाचता भोंवतणचें तण !

खुरसार
कावळ्यां – सवण्यांनी
ह्ळशीक केल्या,
ह्ो अन्याय
पयस करपाचें
खुरसाक
उरुंकना त्राण !

खुरीस .... ह्या रानाचो प्राण,
खुरीस ... ह्या रानाचो एक गुण,
खुरीस .... ह्या रानाची एक देण,
खुरीस ... एक विदीर्ण आकर्षण !

कविता

एक

तें तिचे घर
म्हज्या सामकार
ही म्हजी खोंप
तिच्या सामकार !

तिच्या घराचो
थंड – शितळ आवांठ
म्हजें खोपींत मात्
मल्लांच्या बुरकांतल्यान
येवपी उजवाड,
दाट, दाट .... !

पावसावेळार,
ती तिच्या घराच्या
वंटींची उब घेता
आनी हांव ...
हांव मात् म्हज्या
खोंपीच्या कडव्यातल्यान
येवपी वावझडीन कुडकूडटा !

वोता कडार
ती तिच्या घरात
पंखे लावन वारें घेता
आनी हांव ....
हांव मात् म्हजे खोपींत
वाऱ्याचो फकत गाज आयकता !

तिच्या आंगार
नानातरेचीं वस्त्रां
आनी, म्हज्या आंगार मात्
ही लोळकीं बोंदरा !
तिच्या चडटचा आंगार
चडला यौवनाचो भार
तिच्या नेणटचा आंगार
दडला परमळाचो चंवर !

उकत्या मळबापोंदा
तिचे उकतें न्हाण
हांव तोखेतां
तिची यौवनी खाण !
एकवटावन
दोनूय दोळयांनी
सगलो प्राण !!

हांगा म्हजे
दोन दोळे
हे तोखेवपाक
कमी पडटात !

ती न्हाता....
उकती....
आनी म्हज्या
दोळयांत पेट्टा
लाख लाख चंदरजोतीं !

दोन

हांव खोंप सोडून गेलो,
वतना,
दुख भोगले,
म्हजे मोगाळ
खोंपीखातीर....
तिच्या अुक्त्या
न्हाणाखातीर.... !

तीन

हांव म्हजें भुरगेपण
विसरून गेलों... !

चार

हांव शार सोडून आयलों
येतना ....
खोस भोगली
म्हजे मोगाळ
खोपीचे यादीन,
आसुसली कूड
तिचें न्हाण
सोखेवपाखातीर !

पांच

येतना हांवें
जाण्टेपण पांगुल्लें !

स

येवन दिसले....
बांदीन हांव
म्हजें घर,
घेयन् वारें पंखे लावन,
चडयन नानातरेची वस्त्रां
हुमकळायन वयर झुंबरा !

सात

हांवें पळयलें
तिचें घर.....
....
एक पडींग घर
आयज घर
एक खोंप जाल्या
म्हजे खोपींत
हांवें अणभवल्ल्या
वावझडीइतली
तिचीं दुखां जाल्यां !

तिचें घर जाण्टें जालां
जाण्टेपणात
घर पडींग जालां !

म्हजी खोंप जाण्टी जाल्या
जाण्टेपणात
खोंप, घर जाल्या !

आठ

तिचें आयचें
न्हाण पळोवन
म्हाका आजूनूय
याद जाता,
तिचो चडटो, नेण्टो
यौवनभार !

णव

आयजूय ती न्हाता
थंयच
उक्त्यांनीच .....!

आयज,
ती पांगुरता
लोळकी बोंदरा,
थिगळांनी धांपपाचो
यत्न करता
तिची जाण्टी शिरंतरां !

आयज ....
हें पळयतना
म्हजे दोन दोळे
म्हाका चड जाल्या !

म्हजे दोळे
दुखांनी जड जाल्यात !
दुखांनी जड जाल्यात !!

कविता

आमी ‘त्या’ तळपार बसतना
केन्नाकेन्नाय,
किरकीरो रडत अुडटालो,
ताची याद जाली !
....
आयज,
जिवीत सामकेच
किरकीरे जाला !!

चैत्रचाफों

म्हजे पावल वाटेर
रथ कसो उबो चाफों
चांफ्याचो शिनगार
सैरभैर !

चाफ्याकुशीन
धर्तरेचो वारयत हांसो
मातयेवांगडा
चाफो जाला चैत्र पिसो !

चांफ्याक चाफें मन
मनावैले सुटला भान
तृप्त वाटेक म्हजे
वाटभर गंधाचे दान !

चांफ्याक सुस्त सुस्ती
सुस्तेनूय चांन्याची मस्ती,
धर्तरेचे व्हटयेत आतां
जाल्या चैत्र–चाफ्यांची दाटी!

ऋतु कविता

चैतर

वसंत

आयलो वसंत, आयलो वसंत
आयलो वसंत ऋतुराज आयज !

झाडाझाडार,
शिपडायत पाचवो कोर
रंग भरल्या मळबांत
कुपाकुपांची लायत पैज !

कुहू कुहू गायत कोगूळ
आर्त जाला पंचम स्वरमंडळ
पंचमासयत उठ्ठा आयज
वाऱ्याविरयत गंधारगाज !

अस्तंमतो सुर्य रंग
भरीत धर्तरभांग
धाय-दिको पातळायत
आमुरपिकी पुसट सांज !

उपाट भरल्या आंगात
काळी सावळी काजळरात,
धर्तरी शृंगारीत
चडयत नक्षत्रसाज !

ग्रीश्म

ग्रीश्म काळें मळब पांगरीत
लागलो गीम, लागलो गीम !

मोनी जाली कळयेन कळी
वयर दाटलीं कुपां काळी
दीर्घ उस्वास, स्वास ....
घेयत धर्तरी, गळयत घाम !

धर्तरी उबी मंद – शांत
ताळयेन ताळी लकत लकत
सारता ग्रीश्म दिसानदीस .....
कुकड लकणीं घेयत झेम !

किरकिरी साळोर पिलां
घोटेरमनां विसावल्या
साळोर कोको भरयतना
केन्ना काय सोंपलो ग्रीश्म !

ग्रीश्म काळे मळब पांगरीत
लागलो गीम, लागलो गीम !

वर्षा

चिब चिब उदकसरी
भिजयत आयल्यों धर्तरी !

जमनीची न्हिवली तान
उपाट वारो, पिसाट जावन
शिवशिवपी उदकसरी
भिजयत आयल्यों धर्तरी !

पळयत सकयल काळी कुपां
मनभुलायणी पाचवीं झोपां
पानानपान तटास करीत
भार भारेल्ल्यो उदकसरी !

निस्तेज शिरंतरा, सतेज करीत
रोमलो काळीजखोल मातयेवास
तोडीत सगले बंदपास
रिमझीम उदकसरी !

मळब जाला मचंगमाच
जोगलावण्यांचो चल्ला नाच
दुधाळ फेसान भरीत पाट
एकमुऱ्यों ह्यो श्रावणसरी !

चिब चिब उदकसरी
भिजयत आयल्यों धर्तरी !

शरद

पांचवेचार
दोंगर धुसर
आळयत वारो
सूर गंधार !

धर्तरी
पाचवो चरोंव
सोसतां आंगार
वयर
पगळयत मळब
दंव–थेंब्या भार !

दोंगर रानांक
दुवाळे खर
गळयत फुलां
गंधधार !

शेकडयां वर्सांचो म्हारुख
उबो ह्या दोंगरार
वळयत पाळां
ओले–ओले धर्तरेर !

'त्या' अनवळख्याच्यो
ओल्यो पावलखुणों तणांर,
पळयत धर्तरी,
मळब पेलता
उग्र सुर्य भार !

हेमंत

ल्हाराल्हारार विरयत फेस
मनाक आयज फुटला चंवर !

थंड–शितळ व्हावता वारें
फुलाफुलार चडला मद
मोन्यानी कळयांक आयज
दाटला वास मंद–मधुर !

झाडाझाडान विर्य पोसलां
गंधगर्भी व्हियेलीं फुलां
म्होवाळ म्होवीं चंवर कणी
ओतीत रस धर्तरभर !

हेमंती–गाज सोपता सोपतना
उल्हासला आयज मन
सैमरंगी भरीत कोर
फुटल्यां पाखां पाख्यां पाख्यांर !

ल्हाराल्हारार विरयत फेस
मनांक आयज फुटला चंवर !

शिशिर

व्याकूळ हांगा मनां मनां
झाडा आंगार तनर – पानां
घेवन सुको भांगर कोर
तिरटत झाडांक नवो आंकूर !

झाडान झाड बोडकें जायत
शिरशिरयता कातीनकात
वयर करीत उब्यों मानों
वसंत येवकाराक आशेआशेंत !

गुलाल उधळीत विसावलो
तृप्त सुप्त शिशिर नागडो
लावण्यवती धर्तरी आयज
कापूस कुपां घेयत वेंगेत !

प्रकाश द. नायक

" प्रकाश हो वळवयच्या नामनेच्या गायक आनी हार्मोनियम वादक भौ. दत्ताराम वळवयकारालो चलो. ह्या कवी कोगुळाच्या उतरंताळयांतलें आनी शब्दगळयांतलें संगीत आनी harmony ताका घराण्याच्यान रुखां ताळयेर मेळ्ळयांत जावंये. ह्या कवोंची कांय उतरां घुंगरां कशीं अक्षरशः वाजतात म्हळयार जाता."

" ह्या कवीकडेन कल्पनाविलास आसा. सूक्षीम निरीक्षणशक्त आसा, शब्द सामर्थ्य आंनी नकसुद उतरांची कलाकुसर आसा. उतरांच्या संगीताचें भान, तें आयकुपाचें कान आनी सुरांचे, तालाचें, लयीचें गिन्यान ताजें ठांय आसा तें दिसता.

मनांतले भाव सारके बरे उकतावपाक कवीक शब्दकोशांतली उतरां कमी पडटात, तेन्ना ताका नवीं उतरां घडोवंचीं पडटात, प्रचलीत उतरांय आर्ती-पर्तीं घुंवडावंचीं पडटात. प्रकाश दत्ताराम नायक ह्या कवीकडे विलक्षण म्हणपा-सारकें 'उतरकसब' आसा."

" हो कोंकणी कोगूळ आतां निजाचीं सुंदर आनी गोड गीता गांवक लागला. तो वसंताचें येवप सुचयता. कोंकणी काव्यसाहित्याचो वसंतकाळ आतां पयस ना, तो बेगीन येवपाक घाला."

अक्षय प्रकाशन